# ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्र इंग्लीश-कोंकणी शब्दकोश

मिलिंद म्हामल आनी डॉ. कार्लोस फर्नांडीस.



# ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्र

# इंग्लीश-कोंकणी शब्दकोश

मिलिंद म्हामल आनी डॉ. कार्लोस फर्नांडीस

**ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्रइंग्लीश कोंकणी शब्दकोश**
**मिलिंद म्हामल आनी कार्लोस फर्नांडीस**

**Library and Information Science English Konkani Dictionary**
Milind Mhamal and Carlos Fernandes

पयली उजवाडावणीः डिसेंबर २०२२ First Edition: December 2022

© लेखक © Authors

***प्रकाशक:*** ***Publisher:***

**मिलिंद म्हामल,**
**जी-३, वृंदावन क्लासिक हाऊसिंग सोसायटी,**
**आल्तो बेला विस्ता, लेन 4C**
**सांगोल्डा बार्देश गोवा. ४०३५११**
**भ्रमणध्वनीः ९८२२५८०७८९**

**Milind Mhamal,**
**Vrindavan Classic Housing Society, Alto-Bela Vista,**
**Lane 4C, Sangolda,**
**Bardez Goa. 403511**

**प्रकाशन क्रः ३** **Publication No. 3**

**मुखपृश्ठः आनंद कवठणकार** **Cover Page: Anand Kauthankar**

**छापपीः एरिअल प्रिंट, गोवा वेल्हा गोंय** **Printer: Ariel Prints, Goa Velha, Goa**

**मोलः ३०० रुपया** **Price: Rs. 300/-**

**ISBN** 978-93-5779-999-7

## मोलादीक वावर

आयच्या ह्या विशेशीकरणाच्या म्हळयार स्पेशलायजेशनच्या युगांत पारिशाभीक उतरावळींची भोव गरज लागता. कसलोय मजकूर, थळावे म्हळयार प्रादेशीक भाशेंत बरयतना तो मजकूर मागीर छापील रूपांत आसूं वा डिजिटल पांवड्यार आसूं, त्या त्या विशयाची खाशेली उतरावळ हाता कडेन जाय पडटा. कोंकणीत वेगवेगळ्या फांट्यांची अशी तंत्रीक उतरावळ जावपाक लागल्या. प्रशासकीय उतरावळीचें काम जालां. प्रसार माध्यमां खातीरची उतरावळ करपाचें काम हांव आकाशवाणीच्या खबरां मळावेल्या अणकाराच्या दीर्घ अणभवांच्या म्हालवजार सद्या करतां. काम चालू आसा.

ग्रंथालय आन्नी म्हायतीशास्त्र ह्या विशयाचेर ह्या मळावेल्या दोन जाणकारांनी ह्या विशयावेली इंग्लीश–कोंकणी उतरावळ तयार करून ग्रंथालय मळार आनी कोंकणी भाशेच्या मळार मोलादीक भर घाल्या. कोंकणीच्या उतरावळ आन्नी कोश नांवाच्या शेतांतली एक कुणगी मिलींद म्हामल आनी डॉ कार्लोस फेर्नांडीस हाणी फुलयल्या. दोगूय जाण ग्रंथशास्त्र मळार फाटलीं कितलींशींच वर्सां वावुरतात. ह्या ग्रंथाची गरज कितली हें तांकां अदीक खबर आसा. खंयच्याय मनशान जर ग्रंथशास्त्र विशया कडेन संबंदीत कसलेंय सोद टिपण वा संशोधन अभ्यास पेपर कोंकणींत बरयलो जाल्यार ताका आतां शब्दकोश सोदीत तकलीफोड करपाची गरज ना. गूगलाचेर वचून वेगवेगळ्या उतरावळींतल्यान आपणाक जाय आशिल्लें उतर गाळीत सोदपाची तकालस घेवपाची गरज ना. ही सगळी उतरांची पोटली एके सुवातेर मिलींदबाबान आनी कार्लुसबाबान तयार केल्या. तांकां परबीं फावतात.

आमच्या देशांत हिंदी भाशेंत वेगवेगळ्या फांट्यांच्यो उतरावळी तयार जाल्यात. राज्यांराज्यांनी थळावे भाशेंत विज्ञानीक तशेंच हेर उतरावळी तयार जाल्यात. तांचो लाव विद्यार्थी, शिक्षक, प्राध्यापक, अनुवाद, अधिकारी, संशोधक हांकां जाता. तेच वळेरेंत ग्रंथालय आन्नी म्हायतीशास्त्र ह्या विशयाचेर तयार केल्ल्या ह्या उतरावळीचो लाव कितल्याशाच थरांतल्या जायत्या जाणांक जातलो ही

आस्त आसा. विकसीत जावपी कोंकणी भाशेक हाची खूब गरज आसा. भाशेची गिरेस्तकाय आन्नी समृध्दी अशे तरेन वाडत रावता. भाशेचें शब्दभांडार वाडत वता.

आयचें युग विज्ञान आनी तंत्रगिन्यानाचें आसा. माहिती आन्नी तंत्रगिन्यानान सगळ्या संवसाराचो तोंडावळोच बदलून उडयला. सबंद संवसार एक ग्लोबल गांव जावपाक लागला. हजारांनी मैलांचेर पयस आशिल्ले देश माहिती तंत्रगिन्यानाक लागून एकदम लागीं आयल्यात. ताका लागून विशयांचो आंकडो वाडला. गिन्यान विस्तारीत जायत आसा. अशा वेळार हाता कडेन आपापले भाशेंतल्यो उतरावळी गरजेच्यो.

ह्या ग्रंथांत दोनूय ग्रंथपाल जाणकारांनी उतरावळ घडोवपाक कश्ट घेतल्यात ते दिसतात. कांय कडेन उतरां घडोवचीं पडल्यांत, तातूंत कोंकणीची शुद्धता आनी अर्थाचें नेमकेपण सांबाळ्ळां. Quotation म्हळयार आकारणीपत्र ही एक देख दिवं येता.

मिलिंद म्हामल आनी कार्लोस फेर्नांडीस हांणी हो जो ग्रंथशास्त्र विशया कडेन संबंदीत कोश वावर केला ताका तोखणायेन येवकार दिवंक फावो. तांच्या हातांतल्यान ग्रंथशास्त्रा कडेन संबंदीत कोंकणी बरपावळीचो आनीकूय घसघशीत वावर घडूं आनी ताचो अभ्यासकांक तशेंच सामान्यांक लाव जावं, हे आंवडे.

**- मुकेश थळी**

(साहित्यकार, अनुवादक, कोशकार, आकाशवाणी पणजे केंद्राचेर खबरां विभागाचे सेवेंत)

## आमचीं दोन उतरां....

आमी दोगय, म्हळ्यार मिलिंद म्हामल आनी डॉ. कार्लोस फर्नांडीस ग्रंथालयाशीं तीस वर्सां परस अदीक काळ संबंदीत आसात. पुस्तकांच्या सहवासांत रावून तीं योग्य वाचका मेरेन पावोवपाचो आमी सदांच यत्न केलां. ग्रंथपाल तशेंच ग्रंथालय शास्त्राचें शिक्षक म्हणूनय आमचो वावर आसा. हेर विशया प्रमाण ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्र हो लेगीत एक अभ्यासाचो विशय आसा. ग्रंथांच्या निर्मणी पसून त्या ग्रंथाचे शास्त्रीय पद्धतीन विश्लेशण आनी वर्गीकरण करून ते ग्रंथालयांत मांडप आनी दरेक ग्रंथाक वाचक मेळोवन दिवप, तशेंच त्या सेवेंतल्यान नवीन लेखकांक म्हायती पुरवपाचें आनी उत्तेजन दिवपाचें काम ग्रंथपालाक करपाक जाता. ग्रंथाचो इतिहास, ग्रंथालय आनी समाज, ग्रंथालय साधन-सामुग्री, ग्रंथ बांधणी, ग्रंथाचे वर्गीकरण, ग्रंथालय सुचिका, वळेरीकरण, संदर्भसेवा, म्हायतीशास्त्र, ग्रंथालय वेवस्थापन, संगणकी मृदु-सामुग्री, हे सारख्या विशयाचो आसपाव ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्रांत जाता. ह्या विशयाचेर इंग्लीश भाशेंतल्यान जायतीं पुस्तकां उपलब्ध आसलीं तरी कोंकणी भाशेंत ते विशीं खूप कमी लिखाण आसा. दोन वर्सां पयली हांवे (मिलिंद म्हामल) Goa Public Libraries Act, 1993 ह्या गोंय सरकारच्या कायद्याचो *गोंय भौशीक ग्रंथालय अधिनेम, १९९३* असो कोंकणी अणकार केल्लो. तेच वेळार ह्या उतरावळीची कल्पना सुचली आनी आमी दोंगायनी मेळोन तें काम करचें अशें ठरलें. पूण ते वेळा डॉ. कार्लोस पणजेच्या कृष्णदासशामा गोंय राज्य मदेवर्ती ग्रंथालयाचे क्युरेटर आशिल्ले आनी हांव फादर आग्नेल म्हाविद्यालयांत ग्रंथापाल आशिल्लो. ते खातीर एकामेकाक मेळपाक खूब कठीण आसलें, पूण सुदैवान आमी आतां दोगय गोंय विद्यापीठांत आसात आनी ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्र विभागांत विद्यादानाचें कार्य करतात. ग्रंथालयशास्त्र ह्या विशयाचो अभ्यासक्रम इंग्लीश भाशेंत आसलो तरी हो विशय शिकयताना कोंकणीचो वापर केलो तर तो विशय विद्यार्थ्यांक कळपाक खूप सोपो जाता हो आयजमेरेनचो आमचो अणभव. ह्याच गरजेंतल्यान ह्या उतरावळीची निर्मणी जाल्या. विशेश म्हळ्यार आमी सगल्या भाशेंचें बऱ्या तरेचे वाचक आशिल्ल्यान आमकां हें कार्य करपाक सोपें जालां.

दरेक शब्दाचेर बरोच वेळ भासाभास केल्या उपरांत ही उतरावळ घडल्या. ह्या उतरावळींत चार हजारापरस चड शब्दांचो आसपाव आसा. तांतूतली ग्रंथालयाशीं संबंदीत हजारभर उतरां तरी आमी नव्यान कोंकणींत घडयल्यात आसतलीं. ते खातीर ह्या शास्त्रांतलो आमचो दीर्घ अणभव कामाक आयलो. ह्या विशयाचेर कोंकणींतल्यान बरोवप करताल्याक आनी शिकयताल्याक ह्या उतरावळीचो लाभ जातलो. ह्या शब्दकोशा निमतान कोंकणींतच्या शब्दावळींत भर घालून ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्रातले काय नवें शब्द जोडल्याचे समाधान आसा.

... मिलिंद म्हामल आनी कार्लोस फर्नांडीस